27.02.2025 @ 7.20 pm

## मुखेल खबरो

1 गोंयांतलो पारंपारिक कार्निव्हल  शेनवारा १ मार्चसावन सुरु जातलो कार्निवालाचे एक भाग जावन आशिल्ल्या जमिनीवेल्या खेळांक आयजसावन सुरवात जाली

2 म्हाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांक विशयाचेर अतिरिक्त तशेंच वेवसायीक गिन्यान मेळचें ह्या हेतून आतां सरकारी म्हाविद्यालयांनी तज्ञ आनी वेवसायीकांचीं व्याख्यानां जातलीं

3 एकतेचो महायज्ञ म्हणून महाकुंभाचे स्वागत करताना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आज भारताक आपल्या दायजाचो अभिमान आसा आणि एका नव्या ऊर्जेन वाटचाल करता अशे म्हणला

4 14 व्या डी.डी कोसंबी विचार महोत्सवात स्वामी विवेकानंन्दाचो संदेश ह्या विशयाचेर निवेदीता भिडे हांचे उलोवप जाले

-------

सुशांत 150

गोंयांतल्या पारंपारिक कार्निवालाचे एक भाग जावन आशिल्ल्या जमिनीवेल्या खेळांक आयजसावन सुरवात जाली. आयज राय हांगाच्या सेंट तेरेसा हायस्कुलांत नामनेचे तियात्र कलाकार झेवियर द मायणा हांच्यो तीन पार्ती सादर जाल्यो. गोंयांतलो पारंपारिक कार्निव्हल  शेनवारा १ मार्चसावन सुरु जातलो. गोंय तियात्र अकादमीन ह्यो पार्ती पुरस्कृत केल्ल्यो. तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांणी हे जमनीवयले खेळ शाळेच्या विद्यार्थ्यांमेरेन पावचे आनी तातूंतल्यान उर्बा घेवन विद्यार्थ्यांनी अशा खेळांनी आनी तियात्रांनी वांटेकार जावचे ह्या उद्देशान हे खेळ आयज विद्यालयात सादर केल्यात अशें सांगलें. अंदू सुमार ४० खेळांचे पंगड आपले तियात्र घेवन तयार आसात.

ह्या वेळार मुखेल सोयरे म्हूण म्हालगडो तियात्र कलाकार कॅजी डिकास्ता सेंट तेरेझा हायस्कुलाची प्राचार्य सिस्टर जेनिफर क्रास्टो, शाळा प्रशासक सिस्टर अमेलिया डिसोझा, तियात्र अकादेमीचो उपाध्यक्ष मार्कुस गोन्साल्वीस, अकादेमीचो वांगडी आवितो पिरीस, खेळां तियात्र संघटनेचे अध्यक्ष आरनाल्ड डिकॉस्ता आनी संजू मोंतेरो हाजीर आशिल्ले. ह्या उपक्रमाक गोंय सरकारान दिल्ल्या अर्थीक आदाराक लागून बार्बोझा हांणी मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आनी कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हांचे उपकार मानले.

गणेश 120

म्हाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांक विशयाचेर अतिरिक्त तशेंच वेवसायीक गिन्यान मेळचें ह्या हेतून आतां सरकारी म्हाविद्यालयांनी तज्ञ आनी वेवसायीकांचीं व्याख्यानां जातलीं. हे खातीर उच्च शिक्षण संचालनालयान पात्र मानेस्तांची नेमणूक करतले. उपरांत व्याख्यात्यांची खाशेली वळेरी तयार करतले. हे वळेरेतले मानेस्त वेगवेगळ्या म्हाविद्यालयांनी व्याख्यानां दितले. बँकींग, वेपार, उद्देग, फार्मासी, आयटी, संगणक, पर्यावरण मळार तशेंच वेगवेगळ्या प्रकल्पांत धा वर्सां काम करपाचो अणभव आशिल्ले अधिकारी वा तज्ञ व्याख्यानां दिवपाक पात्र आसात. ते खातीर तांकां उच्च शिक्षण संचालनालयात अर्ज करून सविस्तर म्हायती दिवची पडटली. ज्या व्यक्तींनी एका विशयांत डॉक्टरेट (पीएच.डी.) पदवी मेळयल्या आनी त्या विशयांत खाशेलें योगदान दिलां ती व्यक्तीय व्याख्यानां दिवपाक पात्र थारता. फकत तांणी प्रमाणपत्रां वा योगदानाचे दाखले सादर करप गरजेचें. इत्सूक उमेदवारांनी प्रमाणपत्रां सयत 12 मार्चा मेरेन उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या कार्यालयांत अर्ज सादर करचो, अशें कळयलां.

सुशांत 80

फाटल्या कांय वर्सांनी मडगाव पालिकेन आपल्या करांनी कसलीच वाड करुंक नाशिल्ली. ते फांटभुंयेचेर अंदू वर्सा कांय करांनी दहा ते पंदरा टक्के वाड जावं येता. मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हांणी ही म्हायती दिली.

मडगाव पालिकेची रोखडीच अदमास पत्रकी बसका जावपाची आसा. त्याआदी आर्थिक बाबींचो  नियाळ घेवपाखातीर आयज पालिकेन खाशेली बसका आपयिल्ली. ते बसकेत हो विचार मुखार  आयला अशें शिरोडकार हांणी सांगलें.

मडगाव पालिकेन घरपट्टी करात कसलीच अदीक वाड करपाचो निर्णय घेवंक ना. मात जे लोक  घरपट्टी भरनात तांकां १२ टक्के व्याज लावपाचो निर्णय घेतला अशी म्हायती शिरोडकार हांणी दिली.

गणेश/Rashmi 180

गोंय सरकाराच्या पर्यटन खात्यान राज्यांतल्या वेगवेगळ्या सुवातांचेर बीच शॅकांच्या कामाची अचकीत तपासणी केली. हे तपासणेंत गोंय शॅक धोरणाचे नेम पाळिनाशिल्ल्याचें उक्ताडार आयलां. हातूंत शॅक भाड्याक दिवपाच्या घडणुकांचोय आसपाव आसा. हाका लागून नेम मोडिल्ल्यांक कारणां नोटीस दिल्या. हे तपासणे मजगतीं, अधिकाऱ्यांक फकत उत्तर गोंयांत वट्ट ८० नेम मोडिल्ल्याची प्रकरणां मेळली . जातूंत शॅक भाड्याक दिवपाचोय आसपाव आसा. गोंय शॅक धोरणा खाला ह्या शॅकांक नोटीस धाडल्यात. जाल्यार दक्षीण गोंयांत १९ शॅक्सांनी नेम मोडल्यात.

शॅकांनी जावपी बेकायदेशीर प्रकार उक्ताडार हाडपा खातीर आनी धोरणाचे नेम पाळटा काय ना हें निश्चीत करपा खातीर ही तपासणी केली.
शॅक्सांक कारणां दाखयात नोटीस दिली.

NSD

एकतेचो महायज्ञ म्हणून महाकुंभाचे स्वागत करताना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आज भारताक आपल्या दायजाचो अभिमान आसा आणि एका नव्या ऊर्जेन वाटचाल करता अशे म्हणला. आधुनिक व्यवस्थापन व्यावसायिक, नियोजन आणि धोरण तज्ज्ञांखातीर हो अभ्यासाचो विषय आसा अशे सांगुन प्रधानमंत्रयानी प्रयागराजातल्या महाकुंभाच्या यशाचे कौतुक केले. जगात खंयुच या प्रमाणाचे समांतर उदाहरण ना आणि 144 वर्सां उपरांत संतांनी परत  एकदा विकसित भारत - विकसित भारताखातीर एक नवा संदेश दिला अशे तांणी

म्हणले. मोदींनी आज शेअर केल्या ब्लॉगात हे विचार मांडले. न्हयांच्या संगमाच्या काठार प्रयागराजात कोट्यवधी लोक कशे जमले हे जगान अजापान पळयले हाचेर मोदींनी भर दिलो. या लोकांक औपचारिक आमंत्रणा आणि केन्ना वचपाचे याबद्दल पूराय म्हायीती नाशिल्ली तरीय कोटय़वधी लोक आपापल्या परीन महाकुंभाक गेले आणि पवित्र उदकांत न्हाण केल्याची खोस अणभवली. पवित्र न्हाणा उपरांत अपार आनंद आणि समाधान पसरवपी ती तोंडा हांव विसरूंक शकना ,अशे मोदीन म्हणला. बायला, जाणटी, दिव्यांग भाव -भयणी प्रत्येकाक संगमार वचपाचो मार्ग सापडलो अशे ते उलयले

सुशांत 100

प्रकाशन नेक्स्ट या संस्थेन मडगाव रवींद्र भवनाच्या सांगातान घडोवन हाडिल्ल्या ‘द गोवा बुक फेअर’ आनी बाल साहित्य महोत्सवाक आयज मडगावच्या रवीन्द्र भवनात सुरुवात जाली. आयज सांजवेळा हो महोत्सव उक्तो जाल्ल्याची उपचारीक घोशणा जाळवणदारांनी केली. ३ मार्चमेरेन हो महोत्सव चालू आसतलो.

सध्या ह्या महोत्सवाची कार्यावळ रवीन्द्र भवनात चालू आसा. ह्या महोत्सवानिमतान रवीन्द्र भवन वाठारात व्हड पुस्तक प्रदर्शन भरला. सुमार ४० पुस्तकांची दालना उबारिल्ली आसून तातूंत वेगवेगळ्या भासांची पुस्तकां विक्रेक दवरल्यात. ह्या महोत्सवात वेगवेगळ्या लेखकांकडेन भुरग्यांचो संवाद सादपाखातीर कार्यशाळा घडोवन हाडल्यात. ह्या कार्यशाळेनी ८० परस चड लेखक आणि कथाकार वाटो घेतले. ह्या पाच दिसांच्या महोत्सवात वट्ट देडशें वेगवेगळ्यो कार्यावळी जावपाच्यो आसात अशी म्हायती जाळवणदारांनी दिली.

रश्मि 85

अध्ययन आनी अनुभुती घेवन वास्तविक जग आनी वेगवगळे प्रसंग समजुन घेतल्यार खुपशे प्रस्न सुटावे जावक शकता हाची देख स्वामी विवेकानंन्द हांणी संसाराक दील्या.आयची पिळगी हुशार आसा मात तांका सगळे रोखडेच जाय,मेहनत,जिद्दीन ध्येय मेळोवपाची उमळशीक तांच्या मदी कमी दीसता,हे

सगळे प्रत्येकान आपल्या आत्मविस्वासाचेर विस्वास कमी दवरील्यांन जांवक लागला अशे मत कन्याकुमारी स्वामी विवेकानंन्द केंद्राची उपाध्यक्ष पद्मश्री निवेदीता भिडे हांणी व्यक्त केला.ती 14 व्या डी.डी कोसंबी विचार महोत्सवात स्वामी विवेकानंन्दाचो संदेश ह्या विशयाचेर उलयताली. ह्यावेळार निवेदीता भिडे हिणे स्वामी विवेकानंन्दची वैचारीक स्पश्टता,अंतरीक मुल्यांचे महत्व , आत्मीयता,अध्यात्मीक परंपरेची जाण,हे वीशी म्हायती दीली.

Dip 90

गोंय ओव्हरसीज रोजगार एजन्सीन कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयाच्या जोड पालवान फाल्या सकाळी 11.00 ते दनपारां 1.00 मेरेन उद्देगीक प्रशिक्षण संस्था, फर्मागुडी फोंडा हांगा रचणूक आनी जतनाय तंत्रज्ञान (Framing and Preservation Techniques) विशयाचेर कार्यशाळेचें आयोजन केला.

फ्रान्स देशाची नागरीक आनी रचणूक/ जतनाय तंत्रज्ञान तंज्ञ नाथालिया सोफिया स्ट्राटा ही कार्यशाळा घेतली. ही कार्यशाळा खास गोंयच्या युवकांखातीर आसून कार्यशाळेंत कलाकृतीं, दस्तावेज, आदी वस्तुंची रचणूक आनी जतनाय करपा संबंदीत पारंपरीक आनी समकालीन कुशळटाय शिकयतले. रचणूक आनी जतनाय पद्दती खेरीज सामानाची निवड/ हाताळणी, प्रतिबंधात्मक जतनाय, जतनायेची यंत्रणां आनी युरोपीयन रचणूक दर्जो हे विशीं मार्गदर्शन करतले.

नमस्कार